# कुणाल हांचे हस्तुकीं आयआयटी, गोंयच्या विद्यार्थ्यांचो सत्कार

*आयआयटी गोंयान विधानसभा वेंचणूकेखातीर साबार IT उपक्रम राबयले*

२९ मार्च
२०२२

आयआयटी, गोंयच्या विद्यार्थ्यांनी हालीच गोंय राज्यांत जाल्ल्या विधानसभा वेंचणूकेखातीर साबार IT उपक्रम राबयिल्याबद्दल मुख्य वेंचणूक अधिकारी श्री कुणाल हांचे हस्तुकीं IIT गोंयच्या विद्यार्थ्यांचो सत्कार केलो.

मुख्य वेंचणूक अधिकारी कार्यालयान IIT गोंयच्या जोड पालवान 2022 च्या विधानसभा वेंचणूकेखातीर राज्यांत साबार IT उपक्रम राबयले.

IIT गोंयच्या विद्यार्थ्यांनी मतदारांमदी वेंचणूक प्रक्रियेविशीं जागृती करपा खातीर टेलिग्राम कृत्रिम बुद्धिमत्ता आदारीत चॅटबॉट प्रणालीचेर काम केले.

तुमचे मतदान केंद्र जाणून घेयात- हे चॅटबॉट ॲपाचे एक वैशिष्ट्य आशिल्ले. हे ॲप तरणाट्यांमदी तांचे वेंचणूकेसंबंदीत प्रस्न सोडोवपाखातीर लोकप्रिय जाले. आयआयटीच्या विद्यार्थ्यांनी विकसित केल्ले आनीक एक ॲप्लिकेशन हे कृत्रिम बुद्धिमत्ता आदारीत वेबकास्टिंग जे मतदान केंद्रावयल्या परिस्थितीची म्हायती जाणून घेवपाक मदत करताले. अशा तरेचो देशातलो हो पयलोच उपक्रम आशिल्लो आनी भारताच्या वेंचणूक आयोगान ताची खूप तोखणाय केल्या. तशेंच मतदान करूक नाशिल्ल्या मतदारांच्या वेवस्थापन पोर्टलाची रचणूक आनी विकास आयआयटी विद्यार्थ्यांनी केला.

श्री कुणाल हांणी वेंचणूकेच्या उद्देशान असो अनोखो उपक्रम राबयिल्ले खातीर सगळ्या विद्यार्थ्यांचे आनी प्रो सिन्हा हांचे अभिनंदन केले. प्रोफेसर सिन्हा आनी तांच्या पंगडाच्या प्रयत्नांची तोखणाय करून मतदानाच्या प्रक्रियेत हो ॲप खूप उपयुक्त आशिल्ल्याचे म्हणलें. आयच्या गतिमान डिजिटल जगात आधुनिक गजालीसयत समाजाक उपयुक्त थारपी नवीन सुविधांचो सोद घेवचो, असो उलोय तांणी विद्यार्थ्यांक मारलो.

श्री कुणाल हांचे हांचे हस्तुकीं IIT गोंयचे विद्यार्थ्यी कु. साकार साळुंके, अदिती सक्सेना, युवराज अग्रवाल, शिवम जैस्वाल, उप्पला सुमना, शिवोम आघाल्टे, प्रो. शरद सिन्हा, असोसिएट प्रोफेसर आनी प्रयोगशाळा सहाय्यक श्री कांबळे हांचो सत्कार केलो.

अतिरिक्त मुख्य वेंचणूक अधिकारी श्री नारायण सावंत, जोड सीईओ श्रीमती आयशा वायंगणकर, आयटी चे जोड संचालक श्री प्रवीण वळवटकर, पालवी संचालक आयटी श्रीमती प्रशिला एस बोरकर, वेबकास्टिंगचे नोडल अधिकारी श्री सनेश वर्गीस आनी मे. ITG चे सहाय्यक वेवस्थापक श्री गौरव नाईक ह्यावेळार उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/206

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji